1st August 2026

8.40am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भौशीक परिक्षा (गैरप्रकार प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक, 2026 मंजूर केला.
- अपशब्द आणि द्वेष हातुंतल्यान कायच साध्य जायना, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. भरकटलेल्या तरणांट्यांक ख्यास्त न दिता, राष्ट्रनिर्मिती आणि राष्ट्रहिताच्या योग्य मार्गार हाडपाक जाय, अशे आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी केला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेश आणि कर्नाटकच्या एका दिसाच्या दौऱ्यार आसात. विगड विगड विकासकामांची बुन्याद, उक्तावण आणि लोकार्पण करतले.
- पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीराली निदर्शना, म्हणजे पाकिस्तानी व्यवस्थेचो अस्वीकारच आसा, अशे भारतान म्हणला.
- राष्ट्रकुल खेळांत भारतान बेसबरी कामगिरी करून, जूडोंत दोन इतिहासीक भांगरा पदकां जोडलीं.

President भौशीक परिक्षा विधेयक

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भौशीक परिक्षा (गैरप्रकार प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक, 2026 मंजूर केला. बेरेस्तरा संसदेन हें विधेयक संमत जाल्ले. खर ख्यास्त आनी फास्ट ट्रॅक कोर्ट स्थापन करून, भौशीक परिक्षांनी जावपी अन्यायी पद्दतीचेर, आळाबंदा हाडपाचो ह्या कायद्याचो हेत आसा. विद्यार्थ्यांच्या फुडाराची राखण करतना घटमूट कायदेशीर चौकटी तयार करून, परिक्षा वेवस्थेंत पारदर्शकता, नितीमत्ता आनी प्रामाणीकपण घटमूट करपाचो हे विधेयक यत्न करता.

PM Youth -

अपशब्द आणि द्वेष हातुंतल्यान कायच साध्य जायना, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. भरकटलेल्या वा चुकीच्या मार्गाक लागिल्या तरणांट्यांबद्दल काकळुन बाळगुपाचे आवाहन तांणी केले. तांका ख्यास्त न दिता, राष्ट्रनिर्मिती आणि राष्ट्रहिताच्या भावनेतल्यान योग्य मार्गार हाडपाक जाय, अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हणाले. आपल्या सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एका व्हिडिओ संदेशात, प्रधानमंत्र्यांनी राजधानीत जंतर-मंतर हांगा, हालीच घडील्या एका घडणुकेचो उल्लेख केलो. या घडणुकेकडेन देश आणि जगातल्या लोकांचे लक्ष गेले. अशा वागणुकेन समाजात निर्माण जाल्लो राग आणि निराशा समजुपा सारखी आसली, तरी बालपण हो, शिकपाचो चुको करपाचो आणि त्यो सुधारपाचो काळ आसता, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हणला.

PM AP & Karnatak Visit -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज आंध्र प्रदेश आणि कर्नाटकच्या एका दिसाच्या दौऱ्यार आसात. पयली ते आंध्र प्रदेशाक भेट दितले, जय विजय-नगरम जिल्ह्यात भोग-पुरमात ते सुमार १८ हजार कोटी रुपयांच्या विगड विगड विकासकामांची बुन्याद, उक्तावण आणि लोकार्पण करतले. तशेच ते भोगपुरमात 'अल्लुरी सीताराम राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळा'चे उक्तावण करतले. हे नवीन 'ग्रीनफील्ड' विमानतळ भौशिक-खाजगी भागीदारी (PPP) तत्त्वार ५ हजार ६०० कोटी रुपयांपरस चड खर्चुन उभारला. प्रधानमंत्री मोदी विशाखापट्टणमात 'ए.एस.आय.पी' (ASIP) सेमीकंडक्टर प्रकल्पाची बुन्याद घालतले. 'इंडिया सेमीकंडक्टर मिशन' अंतर्गत मान्यताय मेळिल्लो, हो आंध्र प्रदेशातलो पयलोच सेमीकंडक्टर निर्मिती प्रकल्प आसा. उपरांत, ते कर्नाटकातल्या म्हैसूरात वतले. थंय ते 'स्वामी विवेकानंद सांस्कृतिक युवा केंद्र - विवेक स्मारक'चे उक्तावण करपाचे आसात.

Kiren Rijiju Sansad -

नीट प्रस्नाचेर विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या निदर्शनां वेळार पुलिसांनी केल्ल्या कारवायेक लागून विरोधकांनी निशेद केलो. त्या उपरांत संसदेचे दोनूय सभाघर दिसा खातीर स्थगीत केल्ले. लोकसभेंत बोवाळ जाल्ल्यान जल्म आनी मरण नोंदणी विधेयक, 2026 चर्चा करिनासतना संमत जालें. ह्या विधेयकाक लागून जल्म आनी मरणाची

कळाव जाल्ली नोंदणी विषयीचे कायदे चड कडक जाल्यात. विरोधकांनी हे चर्चेंत वांटो घेवंक नाशिल्ल्यान संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी टिका केली.

आता 3 ऑगस्टाक लोकसभा आनी राज्यसभेचि परतून बसका जातली.

Pakistan Jaiswal -

पाकिस्तानाच्या ताब्यात आशिल्या जम्मू-काश्मीराल्यो, तथाकथित वेचणुको, म्हणजे पाकिस्तानी व्यवस्थेचो अपमानजनक अस्वीकारच आसा, अशे भारतान म्हणला. नवी दिल्लीत प्रसारमाध्यमांक माहिती दितना विदेश व्यवहार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी म्हणले की, पाकिस्तानी व्यवस्था, शांतताप्रिय नागरिकां आड निर्दयी बळाचो वापर करता. या दडपशाहीक लागुन ४० परस चड नागरिकाक, दुर्दैवी मरण आयला आनी कितलेशेच गंभीर जखमी जाल्यात. एका हिंसक राजवटीचो फुडो करताना, थंयच्या नागरिकांनी या बेकायदेशीर हत्यांची स्वतंत्र चौकशी करपाची मागणी आंतरराष्ट्रीय संस्थांकडे केल्या, अशे प्रवक्त्यांनी नमूद केले. भारतान आंतरराष्ट्रीय समुदायाक, पाकिस्तानच्या कृतींचे परीक्षण करपाचे आणि अत्याचारांखातीर तांका जबाबदार धरपाचे आवाहन केले.

PM Meta –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची फेसबुक पोस्ट मर्यादित केल्या प्रकरणान, केंद्र सरकारान 'मेटा' (Meta) या सोशल मीडिया कंपनीच्या जागतिक टीमीक आपयला. या टीमची 'algorithmic bias' आणि भौशीक सुव्यवस्थेतली भूमिका' या मुद्द्यांर चौकशी करतले. 'आकाशवाणी न्यूज'क मेळील्या अधिकृत माहिती प्रमाण, फुडल्या सप्तकाच्या मध्यात, ही चौकशी जावपाची शक्यता आसा. यावेळार मेटाक, तांचो अल्गोरिदम नेमको कसो काम करता आणि भौशीक सुव्यवस्थेबाबत कंपनीची भूमिका किते आसा, यांबाबत स्पष्टीकरण दिवपाक सांगतले.

Kisan samman -

केंद्रीय मंत्रिमंडळान २०२६-२७ ते २०३०-३१ या कालावधी खातीर, 'प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी योजना सुरू दवरपाक मंजुरी दिल्या. माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले की, या पाच वर्षांच्या कालावधी खातीर या योजनेअंतर्गत एकूण ३.१५ लाख कोटी रुपयांच्या आर्थिक तरतुदीक मंजुरी दिल्या. 'पीएम-किसान'

योजने वरवी 'थेट लाभ हस्तांतरण' (DBT) प्रणालीचो वापर करून, पात्र शेतकार कुटुंबांक उत्पन्न सहाय्य दितात. आता मेरेन २३ हप्त्यांच्या माध्यमातल्यान, ४.४७ लाख कोटी रुपयां परस चड रक्कम, थेट शेतकऱ्यांच्या बँक खात्यांत जमा केल्या.

Jaishankar Araghachi Talk –

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी काल सांजे, ताचें इराणी समपदस्थ अब्बास अराघची हांचेकडे चर्चा केली आणि पश्चिम आशियाई प्रदेशात, सुरू आशिल्या संघर्षक लागुन, भारताक लागिल्ली तीव्र चिंता व्यक्त केली. या दूरध्वनी संभाषणा वेळार, डॉ. जयशंकर हाणी आग्रो धरलो की, खंयच्याय परिस्थितीत व्यापारी जहाजां आणि खलाशांवेले हल्ले टाळचे. खंयच्याय पक्षाकडच्यान जावपी, अशा कसल्याय हल्ल्याचो भारत निषेध करता, हाचेर ताणी भर दिलो. मंत्र्यांनी सोशल मीडियार एका पोस्टात सांगले की, तांका सध्याच्यो घडामोडी आणि सुरू आशिल्या चर्चांबाबत, इराणची भूमिकाय समजून सांगली. भारत सदाच संवादावटेन आसा, अशे मंत्री जयशंकर हाणी नमूद केले.

Ashwini Vaishnav Solar -

केंद्रीय मंत्रीमंडळान उर्जा सांठोवपाच्या पद्दतीन, फ्लोटिंग सोलार फोटो वॉल-टिक प्रकल्पांच्या विकासा खातीर, प्रधानमंत्री सूर्य सरोवर येवजणेक मान्यताय दिल्या. वट्ट 5 हजार 70 कोटी रुपया खर्च करून, हे येवजणेक मान्यताय दिल्या अशे आयज प्रसार माध्यमांकडेन उलोयतान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलें.

Commonwealth Games –

ग्लासगोंत जाल्ल्या, राष्ट्रकुल खेळांत भारतान काल आनीक एक बेसबरी कामगिरी करून, जूडोंत दोन इतिहासीक भांगरा पदकां मेळयलीं. दादल्यांच्या जेव्हलिन थ्रोंत याद उरपी अशी, डबल पोडियमाचेर सुवात मेळयली. जाल्यार, डेकाथलॉनांत पयलेच खेपे कांस्य पदक मेळयलें. सध्या भारत एकूण पदक क्रमवारींत, 23 पदकां संयत धावे सुवातेर आसा. तातूंत, पांच भांगरा, 12 रुप्या आनी स कांस्य पदकांचो आस्पाव आसा. ऑस्ट्रेलिया अजुनूय 128 पदकां संयत, पयल्या क्रमांकाचेर आसा, तातूंत 55 भांगरा पदकांचो आस्पाव आसा.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थान, मध्य महाराष्ट्र , दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, कोकण, गोंय, केरळमात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उकतायला. आयज गुजरात, छत्तीसगड, विदर्भा, आसाम, आनी त्रिपुरात जगला संयत, गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला. मजगती, ओडिशांतली हुंवार परिस्थिती अजूनय गंभीर आसा. मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी आयज सकाळीं, हुंवाराक लागून त्रास जाल्ल्या जिल्ह्यांचे, हवाई सर्वेक्षण करतले. तशेंच वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा बचाव, आदार आनी पुनर्स्थापनाचो नियाळ घेतले.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भौशीक परिक्षा (गैरप्रकार प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक, 2026 मंजूर केला.
- अपशब्द आणि द्वेष हातुंतल्यान कायच साध्य जायना, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. भरकटलेल्या तरणांट्यांक ख्यास्त न दिता, राष्ट्रनिर्मिती आणि राष्ट्रहिताच्या योग्य मार्गार हाडपाक जाय, अशे आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी केला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेश आणि कर्नाटकच्या एका दिसाच्या दौऱ्यार आसात. विगड विगड विकासकामांची बुन्याद, उक्तावण आणि लोकार्पण करतले.
- पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीराली निदर्शना, म्हणजे पाकिस्तानी व्यवस्थेचो अस्वीकारच आसा, अशे भारतान म्हणला.
- राष्ट्रकुल खेळांत भारतान बेसबरी कामगिरी करून, जूडोंत दोन इतिहासीक भांगरा पदकां जोडलीं.

------------